# पोटवेंचणूक मतदान दिसा मतदारसंघातल्या कार्यालयांक सुटी

ता. 9 ऑगस्ट 2017

18 श्रावण 1939

गोंय सरकारान पणजी आनी वाळपय विधानसभा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणूकेच्या मतदान दिसा म्हळ्यार बुधवार ता. 23 ऑगस्ट 2017 दिसा पणजी आनी वाळपय मतदारसंघ वाठारातल्या कार्यालयांखातीर भौशीक सूटी जाहिर केल्या.

तशेंच पणजी आनी वाळपय मतदारसंघातले मतदार आशिल्ले सरकारी कर्मचारी, उद्देगीक कर्मचारी, सरकारी आनी उद्देगीक दिसवड्याचे कर्मचारी, खाजगी वेवसायिक आनी उद्देगीक कर्मचारी, खाजगी आस्थापनाचे सगळे कर्मचारी आनी वेगवेगळ्या वेवसाय, वेपार आनी उद्देगानी काम करपी दिवसड्याच्या कर्मचाऱ्यांक हि सुटी पगारी सुटी आसतली.